**आकाशवाणी पणजीच्या**

**राष्ट्रीय खब्रो**

**26th JAN 2025** **6.30 PM**

पुराय देशात आयज 77वो प्रजासत्ताक दीस व्हडा उमेदीन मनयलो . राश्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हाणी नवी दिल्लींतल्या कर्तव्य पथाचेर जाल्या प्रजासत्ताक दिसाच्या परेडाचें फुडारपण केलें . राश्ट्रपती तिरगो हुबयलो उपरांत राष्ट्रगीत आनी 21 तोफांची सलामी दिली. ह्यावेलार युरोपियन आयोगाच्यो अध्यक्षा उर्सुला फॉन डेर लायनआनी युरोपीय काउन्सिलाचे अध्यक्ष आंतोनियो लुईस सांतोस दा कोस्टा हे मुखेल सोयरे म्हुण हाजीर आशील्ले .ताचे पयली प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी राष्ट्रीय झुजा स्मारकाचेर फुलामाळ घालून हुतात्म्यांक आर्गा ओपली .

कार्तव्य पथाचेर जाल्ले प्रजासत्ताक दिसा परेडांत भारताच्या संस्कृतीक विविधतायेचो आनी लश्करी बळग्याचो एक आगळोच मेळ दिसून आयलो. अंदूंचो विशय "स्वातंत्र्याचो मंत्र: वंदे मातरम" आनी "समृध्दीचो मंत्र: स्वावलंबी भारत" हो आशिल्लो. हतुत वेगवेगळ्या राज्यांचें, केंद्र शाशित प्रदेशांचें, केंद्रीय मंत्रालयांचें आनी खात्यांचें प्रतिनिधित्व करपी 30 चित्ररथ प्रदर्शित केले. ऑपरेशन सिंदूराच्या काळांत भारतीय सैन्याच्या मुखेल शस्त्र प्रणालींच्यो प्रतिकृती आशिल्लो त्रिसेवा चित्ररथ हो परेडाचो एक मुखेल आकर्शण आशिल्लो. परेडात 2500 वयर कलाकारांनी सांस्कृतीक सादरीकरण केलें.

राष्ट्रपती मुर्मू हांणी भारतीय वायुदलाचे ग्रौप कॅप्टन सुभांशु शुक्लाक भारताचो सगळ्यांत व्हडलो शौर्य पुरस्कार अशोक चक्र भेटयलो.

राफेल, एसयू-३०, सी-२९५, मिग-२९, अपाचे आणि हेर २९ भारतीय वायुसेनेच्या हवाईकसरतीनी कार्यावळीचो समारोप जालो. महाराष्ट्रांत 77वो प्रजासत्ताक दीस देशभक्तीच्या उमेदीन मनयलो.

ताळगावच्या गोंय विद्यापीठ मैदानार 77वो प्रजासत्ताक दिस देशभक्तीच्या उमेदीन मनयलो . गोय राज्यात मुळाव्या सुविदा मदली गुंतवणूक वाढत आसून गोंय हे सेवा वाठारातले आघाडीचे राज्य जावन आसा, अशे मानादिक राज्यपाल पुसापती अशोक गजपती राजू हाणी म्हणला. भारत देशांच्या उदरगतीत देशवासियांनी तेको दिव्पासयत देशाच्य उबारर्णीत सहभाग घेवचो अशे आवाहन ह्यावेलर राज्यपालानी केले.

मजगती भारतान प्रजासत्ताक दीस व्हड उमेदीन आनी अभिमानान मनयलो अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलें. कार्तव्य पथाचेर जाल्ले परेडांतल्यान देशाची लोकशाय, संस्कृतीक गिरेस्तकाय आनी देशाक एकठांय बांदपी एकचाराची तांक दाखयली अशे ताणी सोशल मिडियापोस्टांत म्हणला . युरोपीय फुडाऱ्यांची हाजीरी हि भारत-युरोपीय संघाची भागीदारी घटमूट जाल्ल्याचें आनी सामायिक मुल्यांकडेन तांची वचनबद्धताय दाखयता अशें तांणी सांगलें.

77व्या प्रजासत्ताक दिसा निमतान नवी दिल्लींत सरकारान खासा आपयल्ल्या शेतकारां वांगडा कृशी मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांणी  भासाभास केली . उण्यांत उण्या आदार मोलान शेतकारांकडल्यान तुर, मसूर, उरद सारकिल्या दाळांची शंबर टक्के खरेदी करपा खातीर सरकार वावुरता अशे ताणी सांगले .

संवसारभरांतल्या भारतीय समाजान विदेशांतल्या भारतीय दूतावासांनी 77वो प्रजासत्ताक दीस उमेदीन मनयलो.चीनांतल्या बीजिंगात राजदूत प्रदीप कुमार रावत हांणी तिरंगो हुबयलो. अमेरिकेच्यो विदेश सचीव मार्को रुबियो हाणें संरक्षण, उर्जा, दुर्मिळ  खनिजां आनी उदयाक येवपी तंत्रगिन्यानाचेर भारत-अमेरिका  सहकार्याची आनी क्वाड वरवीं दोनूय देशांमदल्या बहुआयामी संबंदाची नोंद करून भारताक प्रजासत्ताक दिसाच्यो परबीं दिली. ब्रिटनाचो राजा चार्ल्स हाणें प्रजासत्ताक दिसा निमतान भारतांतल्या लोकांक परबीं दिल्यांत. राष्ट्रकुलाच्या सामुयिक मुल्यांचेर आदारीत भारत-ब्रिटन भागीदारीची तांणी तोखणाय केली.

30 भारत प्रजासत्ताकांत नागरिक पयलें सुवातेर आसात अशें संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हाणी म्हणला. इंग्लीश दिसाळ्यांत बरयल्ल्या एका लेखांत संरक्षण मंत्र्यान सांगलें. ह्या लेखांतल्यान संरक्षण मंत्र्यानी  प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणाखाल भारताचे उदरगतीचे काणयेचेर भासाभास केली.

अमेरिकेंत आयिल्ल्या खर वादळाक लागून सात जाणांक मरण आयलां आनी लोकजीणेत आडमेली आयल्या. दहा लाखां  परस चड लोकांचे  वीज पुरवणेचेर  परिणाम जाला, हजारांनी विमान येरादारी खंडीत जाल्या .

भारतिय हवामान खात्यान फुडले तीन दीस दिल्ली, हरियाणा आनी चंडीगढांतल्या कांय वाठारांनी शियांच्या  ल्हारांचो अदमास उक्तायला.

बँकॉकांत जाल्ल्या एसएएफएफ बायलांच्या फुटबॉल वस्तादपण सर्तीत  भारतान श्रीलंकेचेर 5 आड -2 अशे जैत जोडले .ह्या जैताक लागून भारत स मॅचींनी 12 गूण मेळोवन दुसरे सुवातेर पावलो.

इतल्यान ह्यो राष्ट्रीय खबरो सोपल्योआमचे फुडले खबरापत्र तुमका आयकोक मेळटले फाल्या सकाळी सात जावन २५ मिन्तान्चेर